**Panaji national news 14dec 2025,6.30pm**

**प्रधानमंत्री**

ज्यू लोकांच्या हनुक्का सणाचो पयलो दीस मनयपी लोकांक लक्ष्य करून ऑस्ट्रेलियांतल्या बोंडी बीच हांगा आयज जाल्ल्या भयानक आतंकवादी हल्ल्याचो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन खर निशेध केलो.सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान आपल्या प्रिय व्यक्तींक सोडून गेल्ल्या कुटुंबांक दुख्ख उक्तायलें. ह्या दुख्खाच्या तासांत भारत ऑस्ट्रेलियन लोकां कडेन एकचारान उबो आसा अशें तांणी सांगलें. भारतांत आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय आसा आनी आतंकवादाच्या सगळ्या प्रकारां आड आनी प्रकटीकरणां आड झुजपाक तेंको दिता अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

**द्रौपदी मुर्मू**

आयज राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन दीस. उर्जा संवर्धनाच्या म्हत्वा विशीं जागृताय करपा खातीर आनी उर्जा कार्यक्षमतायच्या मळार राष्ट्रान केल्ल्या कामगिरीचेर भर दिवपा खातीर हो दीस दर वर्सा मनयतात.ह्या संदर्भार अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी नवी दिल्लींत राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन पुरस्कार (एनईसीए) 2025 आनी उर्जा संवर्धनाचेर राष्ट्रीय चित्रकला सर्त 2025 विजेत्यांक भोवमान केलो.उर्जा संवर्धन आतां फकत पर्याय न्हय तर सध्याच्या काळांतली गरज आसा अशें राष्ट्रपती हांणी मेळाव्याक संबोधीत करतना सांगलें. वाचयल्ल्या उर्जेचो दरेक एकक सैमा कडेन जापसालदारकेची भावना दाखयता आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर काळजी आनी संवेदनशीलताय दाखयता अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी भर दिलो.उर्जा संवर्धन आनी निवळ उर्जा संक्रमणाच्या मळार भारतान म्हत्वाचीं पावलां उबारल्यांत अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी सांगलें. देशान थारायिल्ल्या वेळा मुखार निवळ उर्जेचीं वचनबद्धताय पुराय केल्या, जी उर्जा कार्यक्षमताय वाडोवपाच्या आनी डिकार्बनीकरणाच्या दिशेन म्हत्वाचें कामगिरी थारता अशें राष्ट्रपती हांणी नदरेक हाडलेंउर्जा कार्यक्षमतायच्या मळार उत्कृश्ट कामगिरी करपी राज्य पुरस्कारा खातीर कर्नाटकाक गट 1 त पयलें इनाम मेळ्ळें.गट 2 त आंध्र प्रदेशाक पयलें इनाम मेळ्ळें, जाल्यार गट 3 त केरळाक विजेतो वेंचून काडलें.गट 4 खातीर आसामाक पयलें स्थान मेळ्ळें, आनी गट 5 त चंडीगढाक पयलें स्थान मेळ्ळें.

**प्रधानमंत्री**

फाल्यां सावन सुरू जावपी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या जॉर्डनाक दोन दिसांच्या भेटेक दोनूय देशां मदीं राजनयिक संबंद स्थापन जावपाक 75 वर्सां जालीं. भारताच्या शेतांनी इंधन दिवपी फॉस्फेट ते खोल संस्कृतीक बंधनां मेरेन ही भागीदारी आनीक घटमूट जावपाची आसा.जॉर्डनांतले भारतीय राजदूत मनीष चौहान हांणी वेपार, अन्न सुरक्षा आनी लोकां मदल्या संबंदा खातीर हो एक मार्गदर्शक खीण अशें वर्णन केलां.

**टपाल शिक्को**

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी आयज नवी दिल्लींत सम्राट पेरुम्बिदुगु मुथरायर दुसरो सुवरण मरन हाच्या सन्मानार्थ यादस्तीक टपाल शिक्को जाहीर केला. ह्या वेळार उलयतना श्री राधाकृष्णन हांणी तमिळ संस्कृताय आनी भाशेक सरकारान दिल्ल्या सतत आदाराची तोखणाय केली. काशी तमिळ संगमाम सयत जायत्या उपक्रमांचो उल्लेख करून तमिळ राजा, फुडारी, स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांक फावो ती मान्यताय आनी मान दिवपा खातीर सरकाराच्या यत्नांची तोखणाय केली.

**संरक्षण मंत्री**

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान आयज पंकज चौधरीक उत्तर प्रदेशाचे राज्य भाजपा अध्यक्ष म्हणून वेंचून आयिल्ल्यान तांकां शुभेच्छा दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री सिंगान सात फावटीं संसद वांगडी जाल्ल्या एका वर्सांत पक्षा खातीर केल्ल्या समर्पण आनी शिस्तबद्ध वावराची तोखणाय केल्या. श्री चौधरीचो लांब राजकी अणभव आनी कामाची कार्यक्षमताय उत्तर प्रदेशांत पक्ष घटमूट करपाक उपकाराक पडटली अशी आस्त तांणी फुडें उक्तायली

हवेचो दर्जो इबाडिल्ल्यान दिल्ली-एनसीआरभर ग्रेडेड रिस्पॉन्स ॲक्शन प्लॅनाचो चवथो पांवडो पयलींच सक्रिय आशिल्ल्यान हवेचो दर्जो आनीक इबाडचो न्हय म्हूण हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान जायते उपाय केल्यात. आमच्या

संवाददारान कळयलां की ग्राप-चवथ्या खाला दिल्लींत हेर राज्यांतल्यान जड वाहनांचो प्रवेश बंदी आसा.राष्ट्रीय राजधानी प्रदेश आनी लागसारच्या वाठारांतल्या हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान दिल्ली आनी एनसीआर राज्य सरकारांक ह्या म्हयन्यांत थारायिल्ल्या शारिरीक खेळां सर्तींक फुडें धुकलपा संबंदी खर पालन करपाची निर्देश दिल्या. तशेंच शाळा आनी शिक्षणीक संस्था, खेळां संस्था आनी थळाव्या अधिकाऱ्यांक भायले शारिरीक खेळां कार्यावळी बंद करपाची सुचोवणी जारी करपाक, पालकांक संवेदनशील करपाक आनी निर्देशांची अंमलबजावणी बारीकसाणेन नदर दवरपाक सांगलां. खास करून एनसीआरभर हवेचो दर्जो इबाडिल्ल्या सध्याच्या परिस्थितींत प्रतिकूल हवेचो दर्जो भुरग्यांचे भलायकेक गंभीर धोको निर्माण करता अशें आयोगान सांगलां.